राष्ट्रीय खबरो 09.05.2025 8.40 am

- पाकिस्तानकडल्यान घाली आठ क्षेपणास्त्रा हवाई संरक्षण युनिट् सान आडायली आणि रोखली.
- भारतीय सशस्त्र दळान काल पाकिस्तानांतल्या जायत्या सुवातींनी हवाई संरक्षण रडार आनी प्रणालींक लक्ष्य केलें.
- परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी काल सांजे अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हांचे वांगडा चर्चा केली
- भारताच्या प्रत्युत्तर हल्ल्यां उपरांत भियेल्या पाकिस्तान डिजिटल स्पेसात फटीच्यो खबरो आणि चुकीची माहिती पसरवपाचो प्रयत्न करता
- अरुणाचल प्रदेशांत आज दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन SAFF अंडर-19 फुटबॉल चॅम्पियनशिप 2025 सुरू जाता. तर बॅडमिंटनांत काल ताइपे ओपनांत भारतीय शटलर आयुष शेट्टी आनी उन्नती हुडा हांणी दादले आनी बायलांच्या एकोडी सर्तींत क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला.

J&K 135

पाकिस्तानकडल्यान जम्मू आणि कश्मीरातल्या सतवारी, सांबा, आरएस पुरा आणि अर्निया हांगा आठ क्षेपणास्त्रा घाली. संरक्षण सूत्रांनी सांगले की, सगळी क्षेपणास्त्रां हवाई संरक्षण युनिट् सान आडायली आणि रोखली. सूत्रांनी सांगले की, जम्मूतली दृश्यां इस्रायलचेर हमास शैलीतल्या हल्ल्याची याद करून दीतात. पाकिस्तानी सैन्य दहशतवादी संघटना हमाससारखे काम करता आणि वागतात. सूत्रांनी सांगले की, पाकिस्तानची आयएसआय आणि हमास गेल्या महिन्यात पीओकेत मेळील्ले. आंतरराष्ट्रीय शीमे लागसर जम्मू, पठाणकोट आणि उधमपूर हांगच्या लष्करी तळांचेर पाकिस्तानान क्षेपणास्त्रां आणि ड्रोन वापरून लक्ष्य केले. हातुंत कसलेच

नुकसान जावुक ना. भारतीय सशस्त्र दलांनी एसओपी प्रमाण हो धोको निष्प्रभ केलो.

संरक्षण सूत्रांनी सांगले की, पश्चिम आघाडीर खुपशा सुवातीनी ड्रोन दिसले आणि ते शत्रुचे आशिल्याची पुष्टी झाली. भारतीय हवाई संरक्षण प्रणालीं वरवी हे प्रभावीपणान हाताळतात. मजगतीं, काल रातीं 11 वरांचे सुमाराक जम्मू-काश्मीरांतल्या सांबा जिल्ह्यांतल्या आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर सुरक्षा दळान व्हड प्रमाणांत घुसखोरी करपाचो एक व्हड यत्न उधळून लायलो

सेना 65

भारतीय सशस्त्र दळान काल पाकिस्तानांतल्या जायत्या सुवातींनी हवाई संरक्षण रडार आनी प्रणालींक लक्ष्य केलें. संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण लाहोरांतली हवाई संरक्षण यंत्रणा निश्क्रीय केल्या. पाकिस्ताना प्रमाण भारतान प्रत्युत्तर दिला अशें मंत्रालयान सांगलां. ब्रेसतारा पाकिस्तानान ड्रोन आनी क्षेपणास्त्रांचो वापर करून अवंतीपुरा, श्रीनगर, जम्मू, पठाणकोट, अमृतसर, कपूरथला, जालंधर, लुधियाना, आदमपूर, भटिंडा, चंदीगड, नल, फलोदी, उत्तरलाई आणि भुज हाचे सयत उत्तर आनी अस्तंत भारतांतल्या जायत्या लश्करी लक्ष्यांचेर हल्लो करपाचो यत्न केलो.

मिसरि 150

22 एप्रीलाक पहलगामांत जाल्लो आतंकवादी हल्लो हो मुळांतूच तणाव वाडोवपी हल्लो आनी भारत फकत ताका जाप दिता हाचेर भारतान भर दिलो. काल नवी दिल्लींत ऑपरेशन सिंदूराचेर जाल्ले खाशेले म्हायती बसकेत परराश्ट्र सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें की नवी दिल्लीचो हेतू परिस्थिती चिघळवपाची न्हय आनी फकत पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी मुळाव्या साधन सुविधांकच धपको बसला. संवसारभरांतल्या वेगवेगळ्या आतंकवादी हल्ल्यांक लागून संवसारीक आतंकवादाचें केंद्र म्हूण पाकिस्तानाची नामना निर्माण जाल्या अशें परराश्ट्र सचीवान सांगलें. संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषदेत पहलगाम हल्ल्याचेर चर्चा चालू आसतना

पाकिस्तानान पत्रकार निवेदनांत ‘द रेझिस्टन्स फ्रंट’चो उल्लेख करपाक विरोध केलो आणि टीआरएफन हल्ल्याची जापसलदारकी स्वीकारल्या उपरांतूय ताणी जे केला अशें मिश्री हांणी नदरेक हाडलें.

ह्या वेळार कर्नल सोफिया कुरैशी हांणी सांगलें की, भारतीय सशस्त्र दळान काल पाकिस्तानांतल्या जायत्या सुवातींनी हवाई संरक्षण रडार आनी प्रणालींक लक्ष्य करून लाहोरांतली हवाई संरक्षण प्रणाली निश्क्रीय केल्या. पाकिस्तानान भारताचो आदर करचो ह्या एकूच अटीचेर तणाव वाडोचो ना अशी भारताची वचनबद्धताय विंग कमांडर व्योमिका सिंग हाणी परत सांगली .

जयशंकर 80

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी काल सांजे अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हांचे वांगडा चर्चा केली आणि सीमापार दहशतवादाक भारताच्या लक्ष्यित आणि फाव त्या केल्या प्रतिसादार भर दिलो. सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. जयशंकर हाणी म्हणले की, भारत खयच्याय प्रकारच्या वाढत्या प्रयत्नांक ठामपणन फुडो करतलो. दहशतवादा विरुद्धच्या लढाईत भारता वांगडा काम करपाच्या अमेरिकेच्या वचनबद्धतेचे मनापासून कौतुक करता अशे ताणी म्हणले. तशेंच पपराश्ट्र मंत्र्यान इटलीचे उपप्रधानमंत्री आनी परराश्ट्र मंत्री आंतोनियो ताजानी हांचे कडेन जाल्ले दूरसंवादांत आतंकवाद आड भारतान लक्ष्य केल्ल्या प्रतिसादाचेर चर्चा केली.

अटॅक 25

पठानकोट वा राजौरी हांगा आतंकवाद्यांनी आत्मघाती हल्लो केल्ल्याची म्हायती पुरायपणान फटीची आसा अशें संरक्षण सुत्रांनी सांगलां. दोनूय वटांनी रणगाड्यांची हालचाल जावंक ना अशेंय तांणी सांगलें.

लीव 30

दिल्ली सरकारान फुडले सुचोवणे मेरेन आपल्या सगल्या अधिकाऱ्यांची आनी अधिकारि कर्मचाऱ्यांचयो सुटी रद्द केल्या. सध्याची परिस्थिती आनी आपत्कालीन

प्रतिसाद यंत्रणेची तयारी सुनिश्चीत करपाची गरज मतींत दवरून हो निर्णय घेतला अशें अधिकृत आदेशांत म्हणलां.

अरघची 100

भारतान परत एकदा सांगला की तांचो हेतू पाकिस्ताना वांगडाची परिस्थिती चिघळवपाची ना पुण जर लष्करी हल्ले झाले तर ताका अतिशय कडक प्रत्युत्तर दितले. परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नवी दिल्लीत त्यांचे इराणी समपदस्त डॉ. सय्यद अब्बास अरघची हाच्या वांगडा भारत-इराण २० व्या संयुक्त आयोगाच्या बसकेचे सह-अध्यक्षपद भूषयताना हे सांगले. ताणी म्हणले,की पहलगाम हल्ल्याक लागुन भारताक सीमापार दहशतवादी मुळाव्या सुविधांचेर हल्लो करून प्रत्युत्तर दिवपाक भाग पडले आणि हे प्रत्युत्तर लक्ष्यित आणि योग्य तरेन दिला. डॉ. जयशंकर हांणी म्हणले, की हालीच्या काळात, भारत-इराण सहकार्य खुपशा तासांत प्रगती करता. अशे सांगुन भारत-इराण राजनैतिक संबंधांचो हो ७५ वा वर्धापन दिस आसा ह्याची खोस ताणी उक्तायली.

राजनाथ 65

भारतीय सशस्त्र दलांनी ऑपरेशन सिंदूरात उच्च दर्जाच्या उपकरणांचो वापर केला जाका लागुन पाकिस्तान आणि पाकव्याप्त जम्मू आणि काश्मीरात व्हडा संख्येन दहशतवादी मारले. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी म्हणले की, सशस्त्र दलांनी पाकिस्तान आणि पाकव्याप्त काश्मीरातले दहशतवादी तळ उद्ध्वस्त करपाच्या पद्धतीचो देशा खातीर अभिमानाची गोष्ट आसा. नवी दिल्लीत जाल्या राष्ट्रीय गुणवत्ता परिषदेत उलयताना सिंह हाणी देशाच्या सशस्त्र दलांचे त्यांच्या कृती, धैर्य आणि शौर्याबद्दल तोखनाय आणि अभिनंदन केले.

फेक पाक 180

भारताच्या प्रत्युत्तर हल्ल्यां उपरांत भियेल्या पाकिस्तानान डिजिटल स्पेसात फटीच्यो खबरो आणि चुकीची माहिती पसरवपाचो प्रयत्न केला. ते चमत्कारिक

लष्करी विजयांच्यो कथा रचतात ज्यो इस्लामाबादान मीडियाची दिशाभूल करपाचो, जागतिक कथन विकृत करपाचो आणि सार्वजनिक धारणा हाताळ पाचो जाणूनबुजून केल्लो प्रयत्न प्रतिबिंबित करता. ही चिंता इतकी स्पष्ट आसा की पाकिस्तान २०२३त मॉस्को तल्या एका लष्करी स्थळार लागील्या उज्यायो फोटो शेअर करून दावा करता की त्यांच्या क्षेपणास्त्रान भारताच्या हवाई संरक्षण यंत्रणेक धडक दिल्या आनीक एक हास्यास्पद प्रयत्न म्हणजे इंडोनेशियातलो एक पोरणो व्हिडिओ भारतीय लष्करी वसाहतीर हल्लो झाल्याचो दावो करपाक शेअर करप चालु आसा. त्याचप्रमाण, युक्रेन-रशिया संघर्षात पाकिस्तानी सैन्यान एक UAV ड्रोन रोखल्याची प्रतिमा प्रसारित केल्या. ह्यो सगळ्यो गजाली हे दर्शयतात की भियेवन गेल्ले इस्लामाबाद दहशतवाद्यांचे संरक्षण करपाच्या त्याच्या नापाक हेतावेले लक्ष हटोवपाचो आणि फटींगपणा आणि डिजिटल नाटकांच्या जोरार खबरो नियंत्रित करपाचो प्रयत्न करता. पाकिस्तान सोशल मीडियार प्रचार पसरयत आशिल्यान, या कठीण काळात प्रत्येक माहितीची काळजीपूर्वक तपासणी करप अत्यंत महत्वाचे आसा. जर तुमकां संशयास्पद कंटेंट सापडलो विशेषतः भारतीय सशस्त्र दलांबद्दल किंवा सध्याच्या परिस्थितीशी संबंधित कसलीय माहितीविशीचो आसा तर तुम्ही ताची  कागाळ PIB फॅक्ट चेकार करची. तुम्ही अशी कंटेंट 8799711259 या व्हाट्सअ‍ॅप नंबर आणि socialmedia@pib.gov.in या ईमेल आयडीर शेअर करू शकता.

क्रिकेट 50

धर्मशाळेतल्या हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमार पंजाब किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीलो आयपीएल क्रिकेट खेळ  खबरदारी म्हण काल रद्द केलो. स्टेडियमचे फ्लडलाइट्स बंद असताना पंजाब किंग्जन १०.१ षटकांत १ बाद १२२ 122 धांवड्यो केल्ल्यो. आयतारा दनपारां धर्मशाळेत जावपाची आशिल्ली पंजाब किंग्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदली मॅच नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर स्थलांतरीत केल्या.

SAFF 60

अरुणाचल प्रदेशांतल्या पापुम पारे जिल्ह्यांतल्या युपिया हांगा आज दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन SAFF अंडर-19 फुटबॉल चॅम्पियनशिप 2025 सुरू जाता. हे सर्तींत स देश वांटो घेतात. अ गटांत बांगलादेश, भूतान आनी मालदीव, जाल्यार ब गटांत भारत, श्रीलंका आनी नेपाळ हांचो आस्पाव जाता. सांजवेळा 7:30 वरांचेर युपियाच्या गोल्डन जुबली स्टेडियमांर भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं सुरवातीची मॅच जातली. ही चॅम्पियनशीप 18 मे क सोंपतली.

बॅडमिंटन 40

बॅडमिंटनांत काल ताइपे ओपनांत भारतीय शटलर आयुष शेट्टी आनी उन्नती हुडा हांणी दादले आनी बायलांच्या एकोडी सर्तींत क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला. संवसारांत 44वे सुवातेर आशिल्ल्या आयुष शेट्टीन वरिश्ठ भारतीय किदम्बी श्रीकांत हाका हारयलो जाल्यार 17 वर्सां पिरायेच्या उन्नती हुडान चीनी ताइपेच्या लिन सिह युनाक हारयलो.

स्क्वॅश 40

आयज सावन अमेरिकेंतल्या शिकागोंत सुरू जावपी संवसारीक स्क्वॅश चॅम्पियनशिपांत किशोरवयीन स्क्वॅश खेळगडो अनाहत सिंग भारताच्या मोहिमेचे फुडारपण करतलो. संवसारांत 62वे सुवातेर आशिल्ली अनाहत ही भारताची पयल्या क्रमांकाची बायल खेळगडी. पयल्या फेरयेंत तिचो खेळ जागतिक क्रमवारीत २28वे सुवातेर आशिल्ल्या अमेरिकन मरीना स्टेफानोनीआड जातलो.

विमानतळ 65

पाकिस्तानान केल्ल्या आक्रमणाक लागून किशनगढ, भुंतर आनी लुधियाना विमानतळ बंद केल्यात. हाचे आदीं राजस्थान, पंजाब, जम्मू-काश्मीर, चंडीगढ आनी हिमाचल प्रदेशां सयत जायते विमानतळ बंद केल्ले. मजगतीं, देशभरांतले विमानतळ बंद केल्यात असो अप प्रचार करपी प्रसार माध्यमांच्या खबरांक नागरी

विमान मंत्रालयान न्हयकारला. तेच बरोबर दिल्ली विमानतळान प्रवासी सल्लागार जारी करून येरादारी सामान्य उरल्या अशें सांगलां. बदलती  हवाई परिस्थितीक लागून आणि वाडील्या सुरकक्षेक लागून काय उड्डाणाचेर परिणाम जाला